Panaji National 31st March 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल छत्तीसगडात वीज, रस्तो, रेल्वे, तेल आनी वायू, शिक्षण आनी घरां संबंदीत 33,700 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण, लोकार्पण केले आनी बुन्याद घाली.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान दोन दिसांच्या मुंबय भेटेर वतल्यो.

गृह मंत्रालयान फाल्या सावन मणिपूर, अरुणाचल प्रदेश आनी नागालँडाच्या कांय वाठारांनी सशस्त्र दळ खाशेलो अधिकार कायदो (AFSPA) स म्हयन्यां खातीर वाडयलो.

देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी आयज ईद-उल- फित्र धर्मीक उमेदीन आनी उत्साहात मनयतात.

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं गुवाहाटीत जाल्ल्या खेळांत राजस्थान रॉयल्सान चेन्नई सुपर किंग्स (सीएसके) पंगडाक  6 धांवड्यांनी हारयलो.आयज मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्स आनी  कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदीं खेळ जातलो.

PM Chattisgarh – 140
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल छत्तीसगडच्या बिलासपूर जिल्ह्यांतल्या मोहभट्टा हांगा वीज, रस्तो, रेल्वे, तेल आनी वायू, शिक्षण आनी घरां संबंदीत 33,700 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण, लोकार्पण केले आनी बुन्याद घाली. ह्या वेळार भौशीक बसकेंत उलोवप करतना प्रधानमंत्र्यांनी म्हणलें, छत्तीसगडच्या नक्षलग्रस्त भागात कायमस्वरूपी शांततेचे एक नवे पर्व दिसता. राज्यांतल्या पयसुल्ल्या आदिवासी वाठारांनी रस्ते, वीज आनी मोबायल नेटवर्का बरोबरच भलायकी आनी हेर सुविधा दिवपाची वेवस्था सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. हालींच्या वर्सांनी नक्सल बाधिल्ल्या वाठारांनी जायत्यो शाळा सुरू जाल्यात. आदिवासी वाठारांच्या उदरगती खातीर धरती आबा जनजाती उत्कर्ष अभियान सुरू केला अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. हाचे भायर चड

मागास आशिल्ल्या आदिवासी समाजा खातीर पीएम जन-मन येवजण चलता. हाचे खाला हजारो कोटी रुपया खर्च करून आदिवासी वाठारांची उदरगत सुरू आसा. प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री आवास येवजण-ग्रामीनाच्या 3 लाख लावाथ्र्यांचो गृहप्रवेश जालो. प्रधानमंत्र्यान हे येवजणेच्या 3 लाख लावाथ्र्यांक घरांचीं चावी दिली.

Prez Mumbai – 30

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान दोन दिसांच्या मुंबय भेटेर वतल्यो. राष्ट्रपती आयज सांजवेळा शारांत पावतल्यो. फाल्यां मुंबयंत रिझर्व्ह बँकेच्या ९० व्या वर्धापन दिस सुवाळ्याच्या समारोप कार्यावळींत त्यो उपस्थित रावतल्यो.

PM textile – 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कापड कोयर म्हळ्यार textile wasteचे आव्हान अधोरेखित करतना ते पुराय संवसाराक चिंतेचें मुखेल कारण जालां अशें सांगलें. आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यावळींत देशाक संबोधीत करतना मोदी हांणी कापड कोयर फकत एक टक्क्यां परस उण्या प्रमाणांत नव्या कपड्यांत रिसायकल जाता या निष्कर्षाबद्दल चिंता व्यक्त केली. जायत्या राज्यांनी उदका संवर्धनाच्या कामात नवी गती आयल्या हाचेर प्रधानमंत्र्यान समाधान उक्तायलें. दर वर्सा प्रमाण अंदूय 'कॅच द रेन' मोहिमेखातीर झुजा पांवड्यार तयारी जाल्या अशें मोदी हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्र्यांनी नागरिकांक 'कॅच द रेन' ही एक जनचळवळ करची असो उलो मारलो.

AFSPA – 125

गृह मंत्रालयान काल मणिपूर, अरुणाचल प्रदेश आनी नागालँडाच्या कांय वाठारांनी सशस्त्र दळ खाशेलो अधिकार कायदो (AFSPA) स म्हयन्यां खातीर वाडयलो. ही वाड 1 एप्रील सावन लागू जातली. सशस्त्र दळ खाशेले अधिकार कायदो मणिपूरच्या पांच जिल्ह्यांक सोडल्यार सगल्या जिल्ह्यांनी चालू उरतलो. मे 2023 सावन राज्यांत जातीय हिंसाचाराची माळ सुरू आसा.

नागालँडाच्या आठ जिल्ह्यांनी आनी हेर पांच जिल्ह्यांच्या 21 पुलीस स्टेशन वाठारांनी आनीक स म्हयने वाडयला. गृह मंत्रालयाच्या अधिसुचोवणे प्रमाण डिमापूर, न्यूलँड, चुमोकेडिमा, मोन, किफिरे, नोकलाक, फेक आनी पेरेन जिल्ह्यांनी सशस्त्र दळ खाशेले अधिकार कायदो लागू आसतलो. हाचे भायर कोहिमा, मोकोकचुंग, लॉंगलेंग, जुनेबोटो आनी वोखा ह्या पुलीस स्टेशन वाठारांनी तो लागू केला. राज्यांतल्या कायदो आनी सुवेवस्थेची परिस्थिती पळोवन हो निर्णय घेतला अशें अधिसुचोवणेंत म्हणलां.

अरुणाचल प्रदेशांत तिराप, चांगलांग, नौंडिंग आनी नमसाई जिल्ह्यांच्या कांय वाठारांनीय हो कायदो लागू उरतलो.

FPI – 90

परकी गुंतवणूकदारांनी 2024-25 वित्तीय वर्सा भारतीय रिण बाजारांत सुमार 56 हजार कोटी रुपयाची गुंतवणूक केल्या. पूण परकी पोर्टफोलियो गुंतवणुकदार वा एफपीआयन, ह्या वित्तीय वर्सा इक्विटी बाजारांतल्यान 1.2 लाख कोटी रुपया वयर काडले. भारतीय रिणाच्या बाजारांत ते निव्वळ खरेदीदार आशिल्ल्याचे हें सरळ दुसरें वर्स आशिल्लें. वित्तीय वर्स 23-24 वित्तीय वर्सा तांणी रिणाच्या साधनांत 1.2 लाख कोटी रुपया गुंतयले.

अंदू मार्च म्हयन्यां खातीर एफपीआयन 9,711 कोटी रुपया रिणांत गुंतयले पूण इक्विटी बाजारांतल्यान 3,900 कोटी रुपया काडले. एफपीआयन मार्चांत 3,973 कोटी रुपया, फेब्रुवारींत 34,574 कोटी रुपया आनी जानेवारींत 78,027 कोटी रुपया मोलाचे स्टॉक विकले.

Eid – 55

देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी आयज ईद-उल- फित्र धर्मीक उमेदीन आनी उत्साहात मनयतात.

भक्त आज ईदगाह आनी मशिदींत ईद नमाज अदा करतात. दिल्लींत जामा मशिदी, फतेहपुरी मशिदी आनी शाही ईदगाह हांगा मुखेल ईद मेळावो जातलो. हे निमतान कडक सुरक्षा व्यवस्था केल्या. राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मु उपराष्ट्रपती जगडीप धनकर आनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी देश वासीयांक इदाची परबी भेटयल्या.

Chattisgarh – 110

छत्तीसगडातल्या बिजापूर जिल्हयात काल ५० माओवाद्यांनी आत्मसमर्पण केले. यापैकी १३ माओवाद्यांचेर ६८ लाख रुपयांचे बक्षीस जाहीर केल्ले.
राज्यात इतल्या व्हड संख्येन माओवाद्यांनी एकत्रितपनान आत्मसमर्पण करपाची ही पयलीच वेळ आसा. विजापूर जिल्हयाचे पुलिस अधीक्षक जितेंद्र कुमार यादव हाणी सांगले, आत्मसमर्पण केलल्या माओवाद्यांमदि पीपल्स लिबरेशन गेरिला आर्मी - पीएलजीए बटालियन आणि हेर गटांनि सक्रिय आशिल्ले कमांडर आणि सब-कमांडर स्तरावेले माओवादी आसात.
छत्तीसगढच्या बीजापूर जिल्हयांत 50 नक्षलवाद्यांच्या आत्मसमर्पणाबद्दल केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी खोशी उक्तायल्या आनी तांकां मुखेल प्रवाहांत येवकार दिला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत शाह हाणी हेर नक्षलवाद्यांकय हिंसाचार सोडून समाजाच्या मुखेल प्रवाहांत येवपाचो उलो मारला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे धोरण आत्मसमर्पण करपी अतिरेक्यांचे पुनर्वसन आनी विकास सुनिश्चीत करता अशें तांणी सांगलें.

YOUTH PARLIAMENT - 115
युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालय 1 एप्रील ते 3 एप्रील मजगती नवी दिल्लींत 'विकसित भारत युवा संसद' घडोवन हाडटले. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण दरेका राज्यांतल्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांतल्या 75 हजारां वयर तरणाट्यांनी माय भारत पोर्टला वरवीं आपल्यो व्हिडिओ प्रवेशिका सादर केल्ल्यो. राष्ट्राचो फुडार घडोवपाची तांची उमेद आनी वचनबद्धताय दाखयली. हातूंतल्यान राष्ट्राचो फुडार घडोवपा खातीर तरणाट्यांची उमेद आनी वचनबद्धताय दिसून येता. विकसित भारत युवा संसदेची रचना तीन तीन मुखेल पांवड्यानी केल्या. तातूंत, जिल्लो नोडल फेरयो, राज्य फेरयो आनी राष्ट्रीय फेरयो हांचो आस्पाव जाता.
ह्या उपक्रमांतल्या माध्यमातल्यान निर्माण जाल्ले विचार आनी चर्चा सेंट्रल हॉलची सीमा ओलांडून देशभरात प्रतिध्वनित जातले आनी तरणाट्यांच्या फुडारपणा खाला धोरणात्मक सहभाग आनी राष्ट्रीय प्रगतीच्या नव्या युगाची वाट मेकळी जातली अशें मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां.
ISL – 70

फुटबॉलांत जमशेदपूर फुटबॉल क्लबान शिलांगांत नॉर्थईस्ट युनायटेड फुटबॉल क्लबाक 2-0 अशे हारोवन काल इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) 2024-25 च्या उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो. जमशेदपूर फुटबॉल क्लबचो या हंगामातलो हो पांचवो जैत. सर्तीच्या निमाण्या चारांत रेड मायनर्स पंगड लीग शील्ड जैतिवंत  मोहन बागान सुपर जायंटस पंगडा आड खेळटले, जाल्यार हायलँडर्साची मोहीम सोंपल्या. जमशेदपूर 3 एप्रील आनी 7 एप्रीलाक सेमी फायनलीच्या दोन टप्प्यांत  मोहन बागान सुपर जायंटस आड खेळटलो. नॉर्थईस्ट युनायटेड सर्तींतल्यान भायर पडला.

IPL – 135

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं गुवाहाटीत जाल्ल्या खेळांत राजस्थान रॉयल्सान चेन्नई सुपर किंग्स (सीएसके) पंगडाक  6 धांवड्यांनी हारयलो. 183 धांवड्यांच्या लक्ष्याक जाप दितना चेन्नय सुपर किंग्साक निर्धारित वीस ओव्हरींनी स विकेटीं वगडावन फक्त 176 धांवड्यो करपाक येस मेळे. चेन्नय सुपर किंग्सचो कर्णधार रुतुराज गायकवाडान सगळ्यांत चड 63 धांवड्यो केल्यो. राजस्थान रॉयल्साच्या पंगडा खातीर वानिंदू हसरंगान चार विकेटी घेतल्यो.

राजस्थान रॉयल्साच्या पंगडा खातीर नीतीश राणान 36 बॉलांनी 81 धांवड्यो केल्यो.  ताका player of the match घोषित केलो.

काल आनी एका  मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्सान सनरायझर्स हैदराबाडाक 7 विकेटींनी हारयलो. 164 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करपी  दिल्ली कॅपिटल्सान 16 ओव्हरींनी तीन विकेटी वगडावन 166 धांवड्यो केल्यो. ताचे आदीं फलंदाजी करपाचो पर्याय घेतिल्ल्या सनरायझर्स हैदराबादान 18.4 ओव्हरींनी 163 धांवड्यो केल्यो.

आयज  मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्स आनी  कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.